# अध्यात्म हे भारतान जगाक दिल्ले सगळयात व्हड योगदान आसा- राज्यपाल

ता. 5 मे 2022

अध्यात्म हे भारतान जगाक दिल्ले सगळयात व्हड योगदान आसा, अशें राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें. लोकशाय वेवस्थेत सरकार हे सगळें कित्ये आसा, पुण धर्म हो सर्वोच्च आसा आनी धर्मापरस कोणूच श्रेश्ठ ना. ही आमच्या देशाची मूळ संकल्पना आशिल्ली. धर्म आसत जाल्यार राजाची गरज ना- ही खरी संकल्पना आसा. धर्म श्रेश्ठ आसप - म्हळयार लोक श्रेश्ठ आसप. जर आमी ताचो योग्य आदर केलो जाल्यार धर्म आजूनय सर्वोच्च आसा, अशें तांणी म्हणलें.

अखिल गोमंतक श्री सिद्धारुढ सांप्रदाय प्रतिष्ठान, गोवा प्रेम भक्ती साधना केंद्र आनी श्री हरी मंदिर देवस्थान हांच्या जोड पालवान पाजीफोंड माडगांव हांगा काल आयोजीत तीन दिसाच्या सत्संग कार्यक्रमाच्या दुसऱ्या दिसाच्या उक्तावण कार्यक्रमात राज्यपाल उलयताले.

बिदर कर्नाटकचे श्री श्री श्री डॉ शिवकुमार महास्वामीजीच्या हस्तुकीं सत्कार जाले उपरांत राज्यपाल श्री पिल्लई हांणी स्वामीजींचो आशीर्वाद ही म्हज्या मतान कायमची गुंतवणूक आसा, अशें म्हणलें. अध्यात्मिक धर्मगुरू ही आपल्या देशाची खरी संपत्ती आसा. अध्यात्मिक गुरू हे धर्माचे प्रतिनिधी आसात आनी तांणी देशांत धर्म राखून दवरपा खातीर आपली जीण समर्पित केल्ली आसा. सिद्धारुढ प्रतिष्ठान लोकसमाजात अध्यात्म आनी समानता वाडयता, अशें तांणी म्हणलें.

राज्यपालान फुडें म्हणलें, आमी सगळें जनतेचे सेवक आसात. जेन्ना खंयचीय व्यक्ती लोकसेवक जावपाचे थाराता तेन्ना ती व्यक्ती जनतेची सेवा करपाक बांधील आसता आनी ती लोकांची सेवक आसता. राजभवनावतीन राज्यांतल्या डायलिसिस दुयेंतींक मदत दितात आनी आतामेरेन 310 डायलिसिस दुयेंतींक मदत दिल्या.

गोंयचो समृद्ध ग्रामीण वारसो आनी जीणेचेर आपूण बरयतलो, अशें सांगून तांणी गोंय हे एक सोबीत राज्य आसा, अशें म्हणलें. गोंयच्यो दर्यावेळो ह्यो पर्यटकांचे खास आकर्शण आसाच, पुण तांकां गोंयच्या खऱ्या संस्कृतीची, परंपरेची आनी वारशाची वळख करून दिवपाक जाय. गोंयची गांवसंस्कृती समृध्द आसा. आपणे सुमार 100 गावांनी भेट दिल्ली आसून गोंयचो ग्रामीण वाठार खुप सोबीत आसा, अशें तांणी म्हणलें.

केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री आनी प्रतिष्ठानचे अध्यक्ष श्रीपाद नाईक हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात म्हणलें, राज्यपालांक सर्वसामान्यांची जीण आनी तांच्यो समस्यां समजतात.

वीजमंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर, समाजकल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, आमदार विजय सरदेसाय, हरि मंदिराचे अध्यक्ष श्री. सुहास कामत, प्रेम भक्ती साधना केंद्राच्यो अध्यक्षा श्रीमती मनीषा दीदी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ल्यो.

ह्या वेळार डॉ.शिवकुमार महास्वामीजींचे आध्यात्मिक प्रबोधन आनी प्रवचन जाले. राज्यपालांहस्तुकीं डॉ.शिवकुमार स्वामीजींचोय ह्या वेळार सत्कार जालो.

श्री. शर्मद रायतूरकर हांणी निमाणे उपकाराचे उलवप केले. डॉ दयानंद राव हांणी कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन केले.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/322

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji